आकाशवाणी पणजी

05/12/2025

प्रादेशिक  खबरो

7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

- राज्यातल्या बांयला आनी चलयांच्या सुरक्षैच्या अंगणवाडीनी आत्मरक्षणाचे धडे दीवपी खासा मोहिम चालीक लायतले अशी म्हायती संबंधित खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.
- घरमंत्रालयान दिवचल पुलीस स्टेशनाक ह्यावर्साचे  भारतांतलें पांचवें उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण मान्यताय दिल्या.
- राष्ट्रीय भगवद गीता पठण सर्तींत मोक्षा तिरोडकार हिका पयली सुवात
- गोंय सरकाराच्या  म्हायती तंत्रज्ञान आनी पर्यटन खत्यान सरला एव्हिएशन प्रायव्हेट लिमिटेड वांगडा  साम्जीकायची काबलात केल्या
- राजस्थानांत जाल्ल्या खेळो इंडिया विद्यापीठ खेळात दादल्यांच्या बीच व्हॉलीबॉलांत गोवा विद्यापिठ उपविजयतेपद जीखले.

राज्यातल्या बांयला आनी चलयांच्या सुरक्षैच्या फांटभुयेर आता गोंय बायल आनी भुरगी खात्यावतीन राज्यातल्या अंगणवाडीनी आत्मरक्षणाचे धडे दीवपी खासा मोहिम चालीक लायतले अशी म्हायती संबंधित खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

बायलांक सुरक्षा दीतना स्वतचेर केन्ना वायट प्रसंग आयलो जाल्यार आत्मरक्षण कशे करप हे वीशी प्रशिशण दीवपी कार्यशाळा कांय अंगणवाडीनी सुरू जाला आनी ह्या कार्यशाळेक बायलां तशेंच चलयांकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळटा अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

सशक्त नारी ही मोहिम देशभर चालीक लायतना बायलांची सूरक्षेक लेगीत महत्व आसा,तांका आत्मनिर्भर ,सक्षम आनी निडर करपाच्या वचनाक कटीबद्ध आसताना भाजपाच्या सरकारान हो महत्वाचो उपक्रम चालीक लायला अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

घरमंत्रालयान दिवचल पुलीस स्टेशनाक ह्यावर्साचे  भारतांतलें पांचवें उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण मान्यताय दिल्या. पुलीस निरीक्षक विजय राणे, उपअधीक्षक श्रीदेवी बी. व्ही श्रीदेवी आनी तेन्नाचे पुलीस अधीक्षक  राहुल गुप्ता हांच्या फुडारपणा खाला दिवचल पुलीस स्टेशनान

गुन्यांव नियंत्रण आनी सोद घेवपाच्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी केल्या . तशेंच फाटल्या 6 म्हयन्यांत भुरग्यांक अनुकूल अशीं कुडीं, जिम, कर्मचाऱ्यां खातीर दर्जेदार कॅन्टीन, नितळ बॅरेक आदी जोडून पुलीस स्टेशनाची मुळावी बांदावळ वाडयल्या. ह्या सगळ्या निकशांचो विचार घर मंत्रालयाच्या पंगडान केल्ल्या सर्वेक्षणांत केल्लो.
दिवचल पुलीस स्टेशनाक भारतांतलें पांचवें उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण मान्यताय मेळप हो गोंय पुलीस आनी घरखात्या खातीर एक अभिमानाची खीण आसा .माजगती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिवचलचे पोलीस तशेच कर्मचाऱ्यांक परबी दिल्या.

गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान आनी पर्यटन खत्यान सरला एव्हिएशन प्रायव्हेट लिमिटेड वांगडा साम्जीकायची काबलात केल्या . हे वरवी पर्यटन आनी तंत्रज्ञान माळर नवी शिमो उक्तुओ जातल्यो. राज्यांत प्रगत डिझायन आनी उदरगत केंद्र स्थापन करपाची आनी गोंयच्या फुडाराच्या पर्यटन आनी हालचालीच्या परिदृश्यांत प्रणालींचो आस्पाव करपाची बुन्याद ह्या काबलातल्यान जाता.

पट्टोच्या पर्यटन भवनांत जाल्या ह्या कार्यावालिक मानादीक म्हायती आंनी तंत्रज्ञान , आनी पर्यटन मंत्री रोहन खान्नते म्हायती आंनी तंत्रज्ञानत खात्याचे संचालक कबीर शिरगांवकार, पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक आनी हेर मानेस्त ह्यावेलर हाजीर आशील्ले .

ही भागीदारी गोय्च्या फुडल्या पिल्ल्गेखातीर गतिशीलताय आनी डिझाइन-चालित उद्योगांत प्रवेशाखातीर मुलाव्यो सुविधा निर्माण करता. तशेच राज्यात व्हीटीओएल तंत्रज्ञान आणि प्रगत एरोस्पेस डिझाइन आयील्यान नवोपक्रम, पर्यटन आणि शाश्वत गतिशीलताये खातीर नव्यो शक्यताय दितात. हो सहकार कुशळटाय, प्रशिक्षण आनी उच्च मोलाच्या नोकऱ्यां वरवीं गोंयच्या तरणाट्यां खातीर मार्ग उक्तो करतलो.” तांणी म्हणलें, गोंयांत हाडिल्ल्या दर एका नव्या तंत्रगिन्यानाक लागून राज्याची अर्थवेवस्था घटमूट जाता आनी पयलीं आमच्या लोकांक फायदो जावचो हे खातीर आमचें लक्ष आसा.अशे ताणी मुखर सांगळे”

हे भागीदारी खाला सरला एव्हिएशन नवनिर्माण, सृजनशीलताय आनी प्रगत एरोस्पेस तंत्रज्ञान उदरगतीचें केंद्र म्हूण गोंयांत दीर्घकाळ पावल दवरतलें.

"हो सहकार गोंयच्या नवनिर्माण पर्यावरण प्रणालींत प्रगत एरोस्पेस डिझायन हाडटा आनी तंत्रज्ञानाच्या फुडारपणा खाला वाड करपा खातीर आमच्या दीर्घकाळाच्या दृश्टीकोना प्रमाण आसा. धोरणात्मक आदार, डिजिटल मुळावी बांदावळ आनी कुशळ प्रतिभेचो आदार घेवन गोंय राज्यांतल्यान व्हीटीओएल सारकिल्या तंत्रगिन्यानाची रचना, चांचणी आनी स्केल अप करपाक मेळपी मंच जावपाक तयार आसा  अशे संचालक कबीर शिरगांवकार हांणी सांगलें,*."

"पर्यटन क्षेत्रांत नेटान उदरगत जायत आसा आनी प्रवेश आनी अणभव ह्या दोनूय गजालींक वाड दिवपी अभिनव मोबिलिटी उपाय आपणावपाक गोंय बरी स्थितींत आसा.ह्या एमओयू वरवीं आमी हॉस्पिटॅलिटी भागधारकां आनी ऑपरेटरां वांगडा लागींच्यान काम करतले आनी गोंयच्या पर्यटन ऑफरांत व्हीटीओएल तंत्रज्ञान कशें एकठांय करूं येता हाचो अभ्यास करतले. हाका लागून दर्यादेग, रिसॉर्ट्स हांचे मदीं विनाशिल जोडणी मेळटली आनी गंतव्यांचेर, प्रवास वेळ उणो करप आनी पर्यावरणाक अनुकूल प्रवासाक प्रोत्साहन दिवप अशे पर्यटन संचालक श्री केदार नायक हांणी नदरेक हाडलें

गोंयच्या दर्यादेगां मदीं वाड जावन तिची लांबी १९३ किमी इतली जाल्या. १९७० च्या दसकांत १६० किमी इतली आशिल्ली. ३३ किमीन तातूंत वाड जाल्या.

केंद्रीय भूविज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग हांणी राज्यसभेंत ही माहिती दिली.

राष्ट्रीय जलविज्ञान कार्यालयान देशाचो सगल्यांत आदलो वैज्ञानीक विभाग आनी राष्ट्रीय मॅपिंग एजन्सी, 'सर्व्हे ऑफ इंडिया' हांचे मजतीन पुनर्विश्लेशण केलें. ंहे काम राष्ट्रीय सुरक्षा परिशद सचिवालयांतल्या संदर्भां वरवीं केल्ल्याचें सिंग हांणी सांगले.

दयारदेग संरक्षण आनी उदरगत सल्लागार समितीन देशांतल्या सगल्या राज्यां खातीर सुदारीत दर्यादेग लांबायेक मान्यताय दिल्या. राष्ट्रीय पांवड्यारूय, नव्या विश्लेशणा खाला भारताची दर्यादेग ७,५१६ किमी वेल्यान ११,०९८ किमी मेरेन वाडिल्ल्याची म्हायती सिंग हांणी दिली.

गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयान आजय जाहीर केले की, दनपारा ४ मेरेन, एकूण 11,80,421 गणना फॉर्म - जे राज्याच्या मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) चो भाग म्हणून सध्याच्या ११,८५,०३४ मतदारांपैकी

99.61%  आसात - ते एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजिटायझेशन केला. मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर  मेरेन

वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्मvoters.eci.gov.in या संकेत थलावरवी ऑनलाइनसादर करू शकतात.

गोंय विद्यापीठातील राज्यशास्त्राचे सहाय्यक प्राध्यापक प्राध्यापक रावजी  गांवकार हाणी मतदार वालेरीत खाशेल्या पडताळनीवीशी म्हायती दिली .

चिन्मय मिशन हे संस्थेन आयोजीत केल्ले राष्ट्रीय पांवड्यावेले भगवद गीता पठण सर्तींत मडगावच्या मोक्षा महेश तिरोडकार हिणे ड गटात पयली सुवात मेळयली.
चिन्मय मिशन हे संस्थेन दिल्ले खबरेत हे सर्तीत

सोळा राज्यांतल्या वट्ट 178 राज्य पांवड्यावेल्या सर्तींच्या निमाण्या फेरयेंत पयल्या क्रमांकाचेर आयिल्ल्या स गटांतल्या पात्र सर्तकांनी  वांटो घेतिल्लो अशे म्हळा.
चिन्मय मिशन हे संस्थेक ७५ वर्सा पुराय जाल्ल्यान ही सर्त घडोवन हाडिल्ली. राष्ट्रीय पावंड्यावेली ही सर्त पुणे हांगा जाली.
मोक्षा ही पाचवे यत्तेत शिकता.  चिन्मय मिशनाचे भगवद गीता श्लोक पाठ वर्ग प्रशिक्षक छाया पै वैद्य हांचे मार्गदर्शन तिका फावो जाले अशे हेविशी दिल्ले खबरेत म्हटला

जिल्लो पंचायत वेंचणुके खातीर भाजपान आतां मेरेन 40 उमेदवार जाहीर केल्यात सात जाग्यांचेर अपक्षांक तेंको दितले जाल्यार  मगोक तीन सुवाती मेळळयात अशी म्हायती भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर हाणी दिली. ह्या  वेंचणुके खातीर भाजपान 80 टक्क़े नव्या मुख मलांक संद दिल्या . उत्तर गोंयांत आमी जिला परिषद वेंचणुके खातीर 24 उमेदवार उबो केल्यात, तातूंतली एक सुवात मगोक दिल्या आनी दक्षिण गोंयांत 16 उमेदवार उबे जाल्यात, तातूंतली दोन सुवाती मगोक दिल्या अशें ताणी सांगले विरोधी युतीचो आमकां हुस्को ना अशे ताणी मुखार सांगलें.

जिल्हो पंचायत वेचणूकेंच्या फाटभुंयेर  उमेदवारांच्या प्रचारक  नेटान सुरुवात जाल्या. दिवचल, पाळी ,लाटंबार्शे आनी मये या भागातल्या विंगड विंगड पक्षांच्या उमेदवारांनी आपल्या प्रचार कार्याक सुरुवात केल्या. मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हे साखळीत पाळी मतदारसंघात ,दिवचलचे आमदार चंद्रकात शेटये आणि मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हे  आपल्या पक्षाच्या उमेदवारांच्या प्रचारा खातीर कार्य करीत आसा.

दिवचल म्हालांत विंगड विंगड सुवातानी श्री दत्त जयंतीच्या निमत्तान तरेकवार  धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन जालें. सांखळेच्या श्री संस्थान दत्तवाडी देवळात काल सांजवेळा साडेपाच वारांचेर श्री दत्त जन्म सोहळा जालो. राती नव वरांचेर दत्त रौप्य शिबिकोत्सव ही कार्यावळ जाली .आयज   दनपारा महाआरती आनी उप्रांत महाप्रसाद जालो. फाल्यां शेनवार 6 डिसेंबराक सांजवेळा स वरांचेर कीर्तन जातले आनी सात वरांचेर शिबिकोत्सव ही सांस्कृतिक कार्यावळ जातली. मजगती दिवचल म्हालांत दिवचलच्या श्री दत्त मंदिर, मुळगाव ,कारापूर, साखळे आनी हेर सुवतानी दत्त जयंतीनिमित्त विंगड विंगड धार्मिक कार्यवळी जाल्यो.

उड्डाण वेळापत्रकांतल्या खर व्यत्ययाचेर उपाय आनी विमान सेवा कळाव करिनासतना सुरळीत करपा हेतान  नागरी विमान सेवा मंत्रालयान विमान कंपन्यांनी, खास करून इंडिगो कडल्यान बेगोबेग अंमलबजावणी करपा खातीर उपाय आखल्यात. भौसाक जावपी असुविधाय उणी करपा खातीर आनी खासा करून इंडिगोच्या सेवांनी स्थिरताय परतून हाडपा खातीर  आदेश जारी केल्यात.
 विमान प्रवाशांक जावपी त्रासा विशीं केंद्र सरकार पुरायपणान सादूर आसा आनी सगळ्या भागधारकां वांगडा उलोवप चालू आसा .

सूक्ष्म पोशक साऱ्यांवेलों जीएसटी 12 टक्क्यांवयल्यान 5 टक्क्यांनी उणो केला अशी म्हायती केंद्रीय रसायन आनी सारें  ज प नड्डा हांणी दिली  हाका लागून ल्हान शेतकारांक चड आर्थिक लाव जातलो .
जैव कीटकनाशकांचेर जीएसटी उणी केल्यान भारतांतल्या टिकावू शेती आनी पर्यावरणाक अनुकूल पिक संरक्षण पद्दतीचेर सकारात्मक परिणाम जातलो अशें ताणी सांगलें.

शेतकारांचें कल्याण हें आपलें मुखेल प्राधान्य आसा अशें केंद्र सरकारान म्हटलां. आयज राज्यसभेंत  पूरक प्रस्नांक जाप दितना कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३3.६ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २४.७ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला.

28 नोव्हेंबर ते 1 डिसेंबर 2025 मेरेन जाल्ल्या खेळो इंडिया युनिव्हर्सिटी खेळा सर्तींत गोवा विद्यापिठान दादल्यांच्या बीच व्हॉलीबॉलांत उपविजयते पद जीख्ले . चेन्नयच्या एसआरएम आयएसटीचेर 2आड 1 अशी जैत मेळोवन ह्या पंगडान लीग मोहिमेक सुरवात केली. नकआउट फेरयेंत प्रवेश मेळोवपा खातीर जाय आशिल्ल्या कठीण जैतांत गोवा विद्यापिठान कारुण्य इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी अँड सायन्सेस, कोयंबटूराचर 2आड 0 अशी मात केली. आनी गटांत दुसरो क्रमांक मेळयलो.

उपांत्य फेरयेंत गोवा विद्यापिठान कोइम्बतूरच्या करपगम अकादमी ऑफ हायर एज्युकेशनाक 2 आड-0 हारयलो.पुन फायनलींत गोवा विद्यापीठ चेन्नयच्या एसआरएम आयएसटी कडेन 2-0 अशी हार खावची पडली.

कर्णधार सुयश प्रभुदेसाय आनी कश्यप बखले हांच्या वेगान अर्दशतकांच्या जोरार गोंयान सैयद मुश्ताक अली टी-20 क्रिकेट सर्तीच्या लीग मॅचींत बिहाराक 5 विकेटींनी हारयलो.